**विविध सेवांचो लाव घेवपाखातीर मोबाईल नंबर आधार कार्डाक लिंक करप आवश्यक**

ता. 18 ऑगस्ट  2023

विविध सेवांचो लाव घेवपाखातीर मोबाईल नंबर आधार कार्डाक लिंक करप आनी आधार कार्डातली म्हायती अपडेट करप आवश्यक आशिल्ल्याचें युनिक आयडेंटिफिकेशन ऑथॉरिटी ऑफ इंडिया (UIDAI) न जाहीर केला. डिजिटल युगात सरकारी आनी बिगर सरकारी सेवा, अनुदान, निवृत्तीवेतन, शिष्यवृत्ती, सामाजीक लाव, बँकिंग, विमा, कर आकारणी, शिक्षण, रोजगार, भलायकी सेवा आनी हेर अनेक सेवा आनी येवजणांचो लाव घेवपा खातीर  आधार कार्ड म्हत्वाचे आसा. मोबाईल नंबर आधाराक लिंक केल्ल्यान ऑनलाइन सेवांचो लाव घेवपाक सोपे जाता. त्या खातीर आधार कार्डातली म्हायती अचूक आनी अपडेट केल्ली आसप गरजेची आसा.

आधार नोंदणी करतना जांणी आपलो  मोबाईल नंबर आधाराखातीर नोंद करूक ना तांणी कायम नावनोंदणी केंद्राक भेट दिवन नोंदणी करून घेवची. आधार कार्डाक लिंक केल्ल्या मोबाइल नंबराक लागून  अनेक म्हत्त्वाच्या सेवांचो लाव घेवपाक  सोपे जाता. लग्न, राबीत्याचो नामो आनी हेर स्वताची म्हायती   बदलपा खातीर आधार डेटा अपडेट करप आवश्यक आसा. UIDAI पोर्टला वयल्यान लेगीत आपलो डेटा अपडेट करपाक शकतात.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/6450

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.